।। विद्या सर्वस्य भूषणम ।।

**PRABODHAN EDUCATION SOCIETY'S**
**Vidya Prabodhini College of Commerce, Education, Computer & Management**
**Vidyanagar, Alto-Parvari, Goa**
**SEMESTER END EXAMINATION – OCTOBER 2017 (Regular/Repeat)**

Sub: **Konkani** Paper: **Elective** Semester: **I F.Y.B.A.B.Ed.**
M. Marks: **70 marks** M. Time: **2 hours**

*****************************************************************************

सुचोवण्यो: 1. सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.
2. प्रस्ना सामकार दरेका प्रस्नाचे गूण बरयल्यात.
3. नवी जाप नव्या पानार बरोवची.

*****************************************************************************

प्रस्न 1. सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात. (12)

1. भारतीय व्याख्यांच्या आधारान कथेची संकल्पना स्पश्ट करात.
2. कथेच्या प्रकारांची वळेरी दिवन खंयच्याय दोन प्रकारांचेर खोलायेन बरयात.
3. निवेदन आनी ताच्या प्रकारांचेर भासाभास करात.

प्रस्न 2. सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय तीन** प्रस्नांच्यो बरयात. (12)

1. 'प्रातिनिधीक कथां झेल्यांत' मांयचीं वेगवेगळीं रुपां चित्रांयल्यांत. देखी सयत स्पश्ट करात.
2. 'प्रातिनिधीक कथां झेल्यांत' जाण्ट्यााल्यांचें मन वळखुपाक नेण्टीं चुकतात अशें प्रसंग आयल्यात. विधान स्पश्ट करात.
3. भुरग्यांचें निश्पाप मन 'प्रतिनिधीक कथा झेल्यांत' कशें आयला? भासाभास करात.
4. बायलमनीस सशक्त आनी स्वतंत्र रुपांत वावुरता हाचें पडबींब 'प्रातिनिधीक कथां झेल्यांत' आयलां. चर्चा करात.

प्रस्न 3. सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय तीन** वाक्यांचे संदर्भा सयत स्पश्टीकरण बरयात. (12)

1. "हाजें रगत गौरीक दितले तुमी?"
2. "हांव कितलोय जाल्यार दादलो आनी तुमी बायल"
3. "आमकांय येतात चार उतरां!.."
4. "धाकलो पूत आयलो काय. कशी फुलता ती.."
5. "माडा वांगडा हांवूय मोडोन पोडों"

प्रस्न 4. सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय तीन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात. (12)

1. 'अग्निदिव्य'ह्या कथेंत अंधश्रद्धेचेर कशी बडी मारल्या?
2. जोर्जियान आर्मेनियाचेर ताचेच महाअस्त्र कशे पद्धतीन उलटायले?
3. रोजालीनाक पोलीसानी कित्याक कादयेंत घाले?
4. शाणो रामाचें पात्रचित्रण तुमच्या उतरांनी करात.
5. सोन्याचो भार देंवतकच बाबग्याक कसलो पश्चाताप जालो?

प्रस्न 5. अ) सकयल दिल्ल्या सगळ्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात. (05)

1. हो भुरगो काल शाळेक येंवूक नासलो. (उतराची जात वळखून, परी बरयात.)
2. जात नाम वापरून एक वाक्य तयार करात.
3. म्हजे येणावळीचो धाव्वो वांटो हांव दान करतां. (उतराची जात वळखून, परी बरयात.)
4. गूण विशेशणाची देख दिवपी एक वाक्य तयार करात.
5. क्षमा सडसडीत घरांत भितर सरलें. (उतराची जात वळखून, परी बरयात.)

ब) सकयल दिल्ल्या सगळ्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात. (05)

1. विराज तापलो देखून नमिता रडलें. (उतरांची जात वळखून, परी बरयात.)
2. अविकारी उतराची व्याख्या बरयात.
3. संबंदी अव्ययाची देख दिवपी एक वाक्य बरयात.
4. शी! ताणें सामकें विटयलें. (अव्यय वळखात.)
5. जोड अव्ययाची व्याख्या बरयात.

प्रस्न 6. अ). सकयल दिल्लो उतारो कोंकणींत अणकार करात. (06)

The summer had ended yet, the rains, which should have come, did not come. All the wells had dried up and the lakes too had dried. Through these difficult time, she managed to look after her children. She went hungry so that children would not be deprived. But when the earth itself had no water, what could she do?

ब). सकयल दिल्लो उतारो इंग्लीशींत अणकार करात. (06)

आमच्या देशांत संस्कृतायेंत विविधताय आसा. हे विविधतायेंत एकता आसा. हाचें कारण ती विविधताय एकवटाच्या आड येना. आमच्या देशांत धर्माची विविधताय आसा. ती विविधताय आमचो एकामेकां कडलो संपर्क तोडिना. देखून थंयूय एकता आसा. पूण दर एक विविधताय बरी वा विधायक आसताच अशें ना. थोडी विविधताय वेगळोचार करपी,लुकसाण करपी आसता.

***************************************************************************